National News

21.05.2026 @ 6.30 PM

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या पाच देशांच्या अधिकृत दौऱ्याचो निमणो पावंडो  इटलीचो दौरा यशस्वीपणान  करून नवी दिल्लीत परतले . भारत आणि इटलीन दोनुय देशांनी शेती, महत्त्वपूर्ण खनिजां, आयुर्वेद, विज्ञान आणि तंत्रज्ञान, आनी खुपशा  क्षेत्रांत कबलात केल्या. रोमात आपली इटालियन सम पदस्थ जॉर्जिया मेलोनी वांगडा दिल्या एका संयुक्त पत्रकार निवेदनात प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीनी म्हणले की, इटली जगभरात डिझाइन आणि अचूकते खातीर फामाद आसा, तर भारताची ओळख ही विशालता, प्रतिभा आणि परवडपी नवनिर्मितीचे सामर्थ्यशाली केंद्र म्हणून आसा. Byte

राष्ट्रीय क्षयरोग निर्मूलन कार्यक्रमांतर्गत क्षयरोगाचे निर्मूलन करपाक भारतान जगातल्या सगळ्यात व्हड तपासणी आणि बेगीन निदान मोहिमांपैकी एक हातात घेतल्या अशे जिनिव्हात जागतिक भलायकी सभेच्या ७९ व्या सत्राद वेळार 'फुफ्फुसांच्या भलायकी तपासणी वेल्या मंत्रिपदाचे दृष्टिकोन' या विषयार एका कार्यक्रमात उलयताना केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हाणी म्हणला.AI वरवी भलायकी मळार भारतान केल्या सुरवाती विशी ताणी सांगले Byte

भारतीय वाहन उद्योगाक जगात पयल्या क्रमांकार हाडपाचे सरकारचे उद्दिष्ट आसा अशे नवी दिल्लीत आयोजित (AMCHAM) वर्सुकी नेतृत्व शिखर परिषदेत उलयतानाकेंद्रीय रस्ते येरादारीआणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हाणी सांगले. मंत्र्यांनी अधोरेखित केले की, देशाचो वाहन उद्योग जपानाक फाटी घालुन जगात तिसऱ्या क्रमांकार आसा. ७९ लाख कोटींच्या उलाढालीसयत अमेरिका पयल्या क्रमांकार, ४९ लाख कोटींसयत चीन दुसऱ्या आणि आता २२ लाख कोटींसयत भारतान तिसरे स्थान पटकायला अशे  सांगुन गडकरी हांणी म्हणाले की, भारताच्या वाहन उद्योगाची वसुकी वाढ ३० ते ४० टक्के आसा अशे तांणी सांगले Byte

केंद्रीय विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह यांनी आज नवी दिल्लीत एका कार्यक्रमात 'उम्मिद नेटवर्क' राष्ट्राक समर्पित केले. 'उम्मिद' (UMMID) म्हणजे  (Unique Methods of Management of Inherited Disorders) असून, अनुवांशिक जनुकीय विकारांचेर मात करपाक जैवतंत्रज्ञान विभागाच्या नेतृत्वाखाल होएक राष्ट्रीय उपक्रम  निदान, समुपदेशन, प्रतिबंध, प्रशिक्षण आणि भौशीक भलायकी जागरूकता आसपावित आशिल्या एकात्मिक दृष्टिकोनातल्यान अनुवांशिक जनुकीय विकारांचेर उपाययोजना करपाचो हो  भारताचो पयलो व्यापक राष्ट्रीय प्रयत्न आसा. या वेळार उलयताना डॉ. सिंह हाणी म्हणाले की, देशातल्या लोकांक भलायकी सेवा परवडणारी आणि सहज उपलब्ध करून दिवप हे नरेंद्र मोदी सरकारचे प्राधान्य आसा.

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या पदा खातीर तात्पुरत्या कराराचेर अर्ज मागयता. पदवीधर पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान अणकार करपाचें कसब आनी प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. उमेदवारांनी ठरयील्ली फी भरून ताची पावती जोडून head ऑफ rnu खबरा विभाग अल्तीन Panaji हांगा धाडची निमणी तारीख आसा 1 जून .

शिक्षण मंत्रालयाने स्पष्ट केला की, शाळा व्यवस्थापन समिती मार्गदर्शक तत्त्वा २०२६ ही खाजगी विनाअनुदानित शाळांक लागू ना, कारण अशा संस्थांक तांचो खर्च भागोवपाक सरकार वा थकाव्या प्राधिकरणाकडच्यान कसलेच अनुदान मेळ ना.

आयपीएल क्रिकेटत आयचे मॅचींत गुजरात टायटन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमात सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळ जातलो.

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, आनी चंडीगढत कांय सुवातींनी उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला आनी orange जारी केला. 20 मे ते 21 मे मेरेन गोंया खातीर हळडुवो इशारो जारी केला हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फुडले दोन दीस राज्यांत हल्को ते मध्यम प्रमणात पावस पडपाची शक्यताय आसा